**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 08, वर्स 2025**

08 .08.2025 दिसा प्रकाशीत

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22.08. 2025 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22.09.2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:**1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) ऑनलायन

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज, रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकय नासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल नाम्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचीं ईमेल/खातीं/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार इंग्लीश प्रत प्रामाणीत मानतलें.**

## I.वस्तूसंग्रहालय संचालनालय

**संग्रहालयपाल (संग्रह), प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून [Curator (Collection) by Transfer on Deputation] ……. 1 पद (अनारक्षीत) 2 रे फावटी**

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: केंद्र /राज्य सरकार / केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासना अंतर्गत अधिकृत नियमीतपणान समान पद धारण करपी.

## II.भौशीक भलायकी खातें

### मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था

निदानीक मानसशास्त्रांत सहयोगी प्राध्यापक [Associate Professor in clinical Psychology] .....1 पद (अन- आरक्षीत) 2 रे फावटी

वेतन श्रेणी: रू.15,600- 39,100+ 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)     पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारत पुनर्वसन परिशदेन (आरसीआय) मान्यताय दिल्ल्या केंद्रांतल्यान निदानीक मानसशास्त्रांत तत्वज्ञान मास्टर्स पदवी (ii) निदानीक मानसशास्त्रांत डॉक्टरेट.

(iii) निदानीक मानसशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक /व्याख्यातो म्हूण पांच वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) सुचक पत्रिकेंत / जोर्नलांत पयलो/ अनुरूपी (Corresponding) लेखक म्हूण तीन संशोधन पत्रिका /प्रकाशनां आसूंक जाय. (v) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:-मराठीचें गिन्यान.

## III.कार्मिक खातें

मामलतदार/जोड मामलतदार/दक्षता अधिकारी [ Mamlatdars/Jt.Mamlatdar/ Vigilance Officer ] ...4 पदां (2 – हेर मागास वर्गींया खातीर आरक्षीत, 2 अनारक्षीत) 4 पदांतलें एक पद दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत- (सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो (लॅप्रोसी क्युअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), ऍसीड हल्लो पिडीत आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)

टीप : जरी शारिरीक दिव्यांगत्व श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार  अन-आरक्षीत श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी ii) स्थानीक महसूल कायदे, कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळूंक शासकीय कायदे, नियोजन आनी विकास कामाचें गिन्यान आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.